# मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं

ता. 29 मे 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक 36 व्या गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, 1967 वर्सा जनमत कौलान घटक राज्याच्या दिकेन प्रवास सुरू जालो, जे वरवीं गोंयची वेगळी वळख राखपाचो निर्णय जालो, 30 मे हो गोंयच्या इतिहासातलो उगडासाचो दीस. 1987 वर्सा ह्याच दिसा गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो आनी गोंय हे भारत देशाचे 25 राज्य जाले. गोंयकारांनी आपली वळख सांबाळपा खातीर केल्ल्या चळवळीक ह्या दिसा यश मेळ्ळे.

गोंय हे सैमीक सोबितकाय आनी सरबरायेची भुंय. गोंय राज्यान देशाच्या प्रगतीखातीर साबार मळार योगदान दिल्ले आसा. आयज गोंय राज्यान लोकांच्या सहकार्यान आनी प्रकल्प-येवजणांवरवीं भरीव प्रगती केल्ली आसा.

घटक राज्याखातीर योगदान दिल्ले सगळें फुडारी, बुद्धीवान आनी गोंयच्या लोकांचो आयच्या ह्या इतिहासिक प्रसंगार आमी सगळ्यांनी उगडास करून तांकां नमन करूया. राज्याची उदरगत करून स्वयंपूर्ण गोंय करपाचे उद्दीश्ट पुर्ण करपा खातीर आमी कटीबध्द जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/444

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.